**कला आनी संस्कृती खात्यावतीन “सारंगी” वादन कार्यशाळेचे आयोजन**

ता. 14 सप्टेंबर 2023

कला आनी संस्कृती संचालनालयान विद्यार्थी आनी युवा कलाकारांखातीर “सारंगी” वादन कार्यशाळेचें आयोजन केला. ही कार्यशाळा 30 सप्टेंबर ते 2 ऑक्टोबर 2023 मजगती दनपारां 2.00 ते सांजेची 6.00 मेरेन चित्रकला स्टुडिओ, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा घेवपात येतली.

कोलकाता हांगाचे सारंगी वादक श्री. सरवार हुसैन हे कार्यशाळेचे रिसोर्स पर्सन आसा. हुसैन हे ग्वालियर घराण्यातल्या संगीतकारांमदले एक नामनेचे सारंगी वादक आसात.

कार्यशाळेक 30 ते 40 जाणांक पयली येवप्यांक पयली ह्या तत्वाचेर प्रवेश दितले. कार्यशाळेखातीर 200/- रूपया प्रवेश शुल्क आकारतले. प्रशिक्षणार्थींनी आपले सारंगी वाद्य, बरोवपाचे पॅड आनी पेन हाडपाक जाय. प्रवेश अर्ज 14 ते 27 सप्टेंबर मेरेन कामाच्या वेळेत कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा उपलब्ध आसतले. पुराय भरिल्ले अर्ज 28 सप्टेंबर 2023 मेरेन सादर करपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/725

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.